Panaji regional 31.03.2026 devashri 7.20 pm

नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा

मुखेल खबरो

- मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज लोकभवनांत प्लेसमेंट पार्टनर्स आनी एम्प्लॉयर्स मीटाचें उक्तावण केलें.
- चेक्ड बाय डॉक्टर ह्या उपक्रमावरवी गोंय सरकारान बायलांची भलायकेची चाचंणी तशेचं वेगवेगळ्यो तपासण्यो करपाचो उक्रम चालीक लायला. ह्या उपक्रमाचो लाव चडान चड पर्वरीच्या नागरीकांनी घेवचो असो उलो पर्वरीचे आमदार आनी पर्यटन मंत्रि रोहन खंवटे हांणी मारला.
- गोंयांत 1 एप्रीलाक देशांतली पयलीच पुराय डिजिटल जनगणना सुरू जातली तशेंच राज्यभरांत घरगुती नोंदणी खातीर स्व गणना सुरू जावपाची आसा.

cm Rashmi 90

मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज लोकभवनांत placement पार्टनर्स आनी employers मीटाचें उक्तावण केलें. दीन दयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य येवजण 2.0 पुरायपणान प्रत्यक्ष चालीक लावपी गोंय हे भारतातले पयले राज्य आसा अशे ह्या वेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले . ग्रामीण तरणाट्यांचें प्रशिक्षण प्रत्यक्ष उद्देगीक मागणीं कडेन जुळोवप,गोंयांतल्या 12 कार्यकारी प्रशिक्षण केंद्रांनी 1,200 परस चड तरणाट्यांची नोंदणी करप,कुशळटाय आनी संद हांचे मदलो फरक भरपा खातीर नियोक्त्या वांगडा भागीदारी करप. तशेंच स्वयंपूर्ण गोयाखातीर फुडाराक तयार, आत्मनिर्भर कामगार-बळ तयार कररून विकसित भारत करपाची मोख राज्य सरकारान ह्या उपक्रमावरवी दवरला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

बायलांनी स्वतच्या भलायकेची जतनाय घेवची, संसरात व्यस्त आसतना आपल्या भलायकीकडे दूर्लक्ष केल्यार ताचो परीणाम दुयेसांनी जाता आनी उपरांत भलायकी इबाडटा. चेक्ड बाय डॉक्टर ह्या उपक्रमावरवी गोंय सरकारान बायलांची भलायकेची चाचंणी तशेचं वेगवेगळ्यो तपासण्यो करपाचो उपक्रम चालीक लायला. ह्या उपक्रमाचो लाव चडान चड पर्वरीच्या नागरीकांनी घेवचो असो उलो पर्वरीचे आमदार आनी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी मारला. पर्वरे मुळाव्या भलायकी केंद्रात चेक्ड बाय़ डॉक्टर ह्या कार्यावळीचे उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले.

"रघुवीर मुळगावकरांच्या चित्रांचे वर्णन करताना नामनेचे लेखक आचार्य अत्रे हाणी 'सौंदर्य आनी मार्दव' अशी उतरा वापरलीं. मुळगांवकार हे सौंदर्याचे निष्ठावंत उपासक आशील्ले आनी ताणी आपल्या रंगाच्या ब्रशान देवतांक जणू नवजीवनच दिले," असे 'रंगसम्राट'चे लेखक परेश प्रभू हाणी गोंय कला अकादेमींत जाल्ल्या पुस्तक विमोचन सुवाळ्यांत उलयताना म्हणले. आचार्य अत्रे हाच्या 'झेंडूची फुले ह्या पुस्तकाचें **मुखपृष्ठ** मुळगावकरांनी तयार केल्लें. मुळगांवकाराचो चित्र काढपाचो वेग थक्क करपी आशील्लो . ३०-३५ वर्सांच्या कारकिर्दींत तानी दिसाक ३-४ रंगीत चित्रां पुराय केल्लीं अशीं नोंदी आसात. ताच्या अफाट वावराक लागून ताका शंकराचार्यान चित्र सार्वभौम ही मानाची पदवी दिल्ली अशे प्रभू हाणी सांगले.

उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालय 14 एप्रील 2026 दिसा राष्ट्रीय उजो पालोवपी सेवा दीस मनयतले.स्मरणात्मक कार्यावळींचो एक भाग म्हूण राज्यभरांतल्या शालेय विद्यार्थ्यां खातीर 04 एप्रील 2026 दिसा वेगवेगळ्या उजो पालोवपी केंद्रांनी पोस्टर सर्त घडोवन हाडटले.तरणाट्या विद्यार्थ्यां मदीं अग्निसुरक्षेविषयी जागृताय वाडोवप आनी तांकां सक्रियपणान योगदान दिवपाक प्रोत्साहन दिवप हो हे सर्तीचो हेतू आसा. .सर्त पयलो गट आनी दुसरो गट अश्या दोन गटांत जातली. पयलो गट 7 ते 10 वर्सां पिरायेच्या विद्यार्थ्यांखातीर आसा आनी विशय आसा "Stop, Drop and Roll-Stay Safe from Fire". दुसऱ्या गटांत 11 ते 14 वर्सां पिरायेच्या विद्यार्थ्यांचो आसपाव आसतलो आनी

विशय आसतलो ""Fire Safety Awareness for a Safer Society" सर्तीचो काळ दोन वरां, सकाळीं 10:30 ते दनपारां 12:30 मेरेन आसतलो

गोंयांत 1 एप्रीलाक देशांतली पयलीच पुराय डिजिटल जनगणना सुरू जातली तशेंच राज्यभरांत घरगुती नोंदणी खातीर स्व गणना सुरू जावपाची आसा. एकोनिषे सत्तेचाळीस वर्सा भारताक स्वातंत्र्य मेळ्ळया उपरांत ही 8वी जनगणना आसतली आनी अठराशे ब्यातर वर्सा देशांत जनगणनेचो अभ्यास सुरू जाले उपरांत 16वी जनगणना आसतली. जनगणनेचे प्रक्रियेंत पयलेच खेपे कोंकणीचो आस्पाव जाला. हे विंशी पत्रकार परिशदेंत ulaytana जनगणना संचालक चेष्टा यादव हांणी सांगलें की गोंयांतली जनगणना दोन टप्प्यांनी जातली. **Byte**

पयलो टप्पो-घरांची वळेरी आनी घरांची जनगणना-1 एप्रील ते 15 एप्रील मेरेन स्व: गणना करून सुरू जातली.स्व गणना आपणेच करप आसा आनी सक्तीची ना. ताचे उपरांत 16 एप्रील ते 15 मे मेरेन गणक घरां घरा भेट दितले.दुसरो टप्पो म्हणल्यार लोकसंख्या गणना 9 फेब्रुवारी ते 28 फेब्रुवारी 2027 मेरेन देशभरांत जनगणना जातली.प्रशासकीय हेतून गोंयच्या तीन जिल्ह्यांनी-उत्तर गोंय, दक्षिण गोंय आनी कुशावतींतल्यान सव्वीस शुल्कांनी विभागल्यात. जनगणना वेवस्थापन आनी निरिक्षण प्रणाली वरवीं डिजिटल जनगणना जातली. जनगणनेच्या प्रस्नच्या वळेरेत घरगुती, वेगवेगळ्या समाजीक-आर्थीक निर/देशकांचो आस्पाव करपी तेतीस प्रस्न आसपावीत आसा.16 एप्रील सावन घरांक भेट दिवपी जनगणना अधिकाऱ्यांक बार कोड केल्लीं वळखपत्रां आसतलीं, जीं नागरिकांक ह्या अधिकाऱ्यांची ओळख पटोवन घेवपाकातीर स्कॅन करपाक मेळटली.

स्व: जनगणना नोंदणी करपी सुविधा/वरवी नागरिकांक तांचे घरगुती तपशील डिजिटल रितीन सादर करपाक मेळटली. ती 1 एप्रील ते 15 एप्रील मेरेन उपलब्ध आसतली.स्वयंगणना वापरपी रहिवाशांनी वेबसायटी वरवीं वा मोबायल ॲप्लिकेशनां वापरून आपलो जनगणना डेटा भरूं येता. स्व गणना करपाचो अर्ज कोंकणी सयत 16 भाशांनी उपलब्ध आसतलो.

नागरिकांनी आपलो मोबायल क्रमांक वापरून लॉग इन करून आपल्या घरगुती संबंदीत तेततिस  प्रस्नांचो संच भरू येता. फकत एक मोबायल नंबर एका घरांत जोडूंक मेळटा. फॉर्म यशस्वीपणान सादर केल्या उपरांत दरेका घराक 11 अंकांचो खाशेलो आयडी जारी करतले. नागरिकांनी भेटी वेळार ही आयडी गणकांक सादर करची पडटले.

छत्तीसगडांत चालू आशिल्ल्या खेलो इंडिया आदिवासी खेळां सर्तींत गोंयच्या  दादल्यांच्या फुटबॉल पंगडान  उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो.  रायपूरांत जाल्ले  मॅचींत गोंयान मिझोरामाक 4-1 अशे हरोवन हे जय जोडले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.3 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 24.8 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

- मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज लोकभवनांत प्लेसमेंट पार्टनर्स आनी एम्प्लॉयर्स मीटाचें उक्तावण केलें.
- चेक्ड बाय डॉक्टर  ह्या उपक्रमावरवी गोंय सरकारान बायलांची भलायकेची चाचंणी तशेचं वेगवेगळ्यो  तपासण्यो करपाचो उक्रम चालीक लायला. ह्या  उपक्रमाचो लाव चडान चड पर्वरीच्या नागरीकांनी घेवचो असो उलो पर्वरीचे आमदार आनी  पर्यटन मंत्रि  रोहन खंवटे हांणी मारला.
- गोंयांत 1 एप्रीलाक देशांतली पयलीच पुराय डिजिटल जनगणना सुरू जातली तशेंच राज्यभरांत घरगुती नोंदणी खातीर स्व गणना सुरू जावपाची आसा.